# गिराण पळोवपाचें ओक्ल:

## वापरपाचे निर्देश




**खग्रास सूर्यगिराण**

*सोमार, 8 एप्रील 2024*

© 2014-2024
Eclipse2024.org

# TERMS AND CONDITIONS FOR USE OF ECLIPSE GLASSES

**Please read these Instructions for Use carefully before using the Eclipse Glasses. Your purchase and use of the Eclipse Glasses constitutes your agreement to these Terms and Conditions. Failure to follow these Instructions for Use may result in serious personal injury, including permanent eye damage. If you do not understand these Instructions or cannot follow them diligently and completely, then you should not look at the Sun at any time, with or without the Eclipse Glasses.**

The term “Eclipse Glasses” refers to the special cardboard-and-polymer optical products, marked “ISO 12312-2” and “SAFE FOR DIRECT SOLAR VIEWING”, manufactured by Rainbow Symphony of Reseda CA or American Paper Optics of Bartlett TN, and sold by Eclipse2024.org for the purpose of viewing the Sun during the solar eclipse of April 8, 2024, by or under the direct supervision of a person 18 years of age or above and in accordance with these Instructions for Use.

Observing the Sun directly, without the benefit of eye protection provided by the Eclipse Glasses, will likely result in serious personal injury, up to and including permanent eye damage and blindness. When these Instructions for Use are followed completely and precisely, the undamaged and unmodified Eclipse Glasses have been proven to be safe and effective in allowing direct, short-term viewing of the Sun. If these Instructions for Use are not followed, or if damaged or modified Eclipse Glasses are used, permanent eye injury could result.

You should never look directly at the Sun, with or without the aid of the Eclipse Glasses, if you have any temporary or permanent medical or other condition which either (1) prevents your use of the Eclipse Glasses according to these Instructions for Use, or (2) which predisposes you to an increased or special risk of incurring, worsening, or contributing to the effects of any optical condition, or other medical, health, or other condition, by looking or attempting to look at the Sun.

You should never attempt to perform any other activity (such as driving or walking) while using the Eclipse Glasses.

You agree that if you allow others to use the Eclipse Glasses, you will provide each such user with a copy of these Instructions for Use and will make sure such user reads and understands the Instructions for Use before using the Eclipse Glasses.

By using the Eclipse Glasses to view the Sun, you agree with the following:

(a) you understand these Instructions for Use completely;
(b) you understand and accept the risks associated with improper use of the Eclipse Glasses;
(c) you accept full responsibility for, and assume all risks associated with, the act of viewing the Sun, with or without the use of the Eclipse Glasses; and
(d) the Eclipse Glasses are fragile, and any damage or modification will render them immediately and permanently unusable for their intended purpose.

Release and Limitation of Liability

By way of purchasing and using the Eclipse Glasses, you are irrevocably releasing, indemnifying, and holding harmless the manufacturer and seller from any liability, loss, claim and expense (including attorney’s fees), including but not limited to bodily injury or other personal harm, which may result from using the Eclipse Glasses under any circumstances or conditions and irrespective of jurisdiction. Neither the manufacturer nor the seller will be responsible for any damages of any kind, irrespective of reasons, conditions or circumstances, including malfunctioning of the Eclipse Glasses. All risks associated with using the Eclipse Glasses rest solely and entirely with the user, irrespective of whether the Eclipse Glasses are used by the original purchaser or any third party. You fully understand and assume the risks in using the Eclipse Glasses. You confirm that you have read this release of liability and fully understand its terms and that you have given up substantial rights by purchasing and using the Eclipse Glasses.

THE MANUFACTURER AND SELLER OF THE ECLIPSE GLASSES MAKE NO WARRANTY OF ANY KIND, EXPRESSED OR IMPLIED, WITH RESPECT TO THE ECLIPSE GLASSES, INCLUDING BUT NOT LIMITED TO THE IMPLIED WARRANTIES OF MERCHANTABILITY, FITNESS FOR A PARTICULAR PURPOSE, AND NON-INFRINGMENT. NEITHER THE MANUFACTURER NOR THE SELLER SHALL BE LIABLE FOR ANY OTHER DAMAGES, INCLUDING BUT NOT LIMITED TO DIRECT, INDIRECT, INCIDENTAL, SPECIAL, CONSEQUENTIAL, OR EXEMPLARY DAMAGES, WHETHER IN AN ACTION IN CONTRACT OR TORT (INCLUDING NEGLIGENCE AND STRICT LIABILITY), SUCH AS, BUT NOT LIMITED TO, LOSS OF ANTICIPATED PROFITS OR BENEFITS RESULTING FROM, OR ARISING OUT OF, OR IN CONNECTION WITH THE USE OR FURNISHING OF THE ECLIPSE GLASSES OR THE PERFORMANCE, USE OR INABILITY TO USE THE SAME, EVEN IF THE MANUFACTURER OR SELLER HAS BEEN ADVISED OF THE POSSIBILITY OF SUCH DAMAGES. IN NO EVENT WILL THE MANUFACTURER’S OR SELLER’S TOTAL LIABILITY EXCEED THE PRICE PAID FOR THE PRODUCT.

Note Regarding Translations

Translations of these Instructions for Use into various languages are provided “AS-IS” and solely for the convenience of the reader. Eclipse2024.org has made reasonable efforts to ensure the accuracy of the Translations; however, in the event of any perceived discrepancy in meaning or interpretation between the English version and any Translation, the English version will prevail. You should not act in reliance on anything contained in any Translation of these Instructions for Use, but should refer to the official English version.


© 2014-2024
Eclipse2024.org


# ***खग्रास सूर्यगिराण – सोमार, 8 एप्रील 2024***

**उत्तर अमेरिकेक तुमकां येवकार!**

एक खग्रास सूर्यगिराणाचो अणभव घेवपा खातीर तुमी आमचो देश वेंचला म्हण आमकां खूब खोशी भोगता, आनी सगलीं हे व्हडले घडणुकेक बरे तरेन पळोवपाक सक्षम आसतलीं अशें आमी आंवडेतात!

*तुमचे सोयीखातीर आमी हे निर्देश कोंकणीन दितात. हे निर्देश, मार्गदर्शन, अस्वीकरण ("निर्देशांचो"), बी हांची इंग्लीश आवृत्तीच सुर्याक प्रत्यक्ष पळोवपा खातीर गिराण पळोवपाचें ओक्ल योग्य आनी उचीत वापराचे माहितीचें आनी मार्गदर्शनाचें अधिकृत आनी पूर्ण स्त्रोत आसा. सगले निर्देश https://tinyurl.com/2024Instructions हाचेर मेळटले, आनी गिराण पळोवपाचें ओक्ल वपार करपा खातीर तुमकां हें वाचचे, समजुचे आनी पाळचे पडटले.* ***निर्देश पाळपाक अपेस येत जाल्यार दोळ्यांक गंभीर लुकसाण जावं येता.***

खगोलशास्त्री 8 एप्रील 2024 ह्या गिराणाक एक "खग्रास सूर्यगिराण" म्हणटात, पूण सम्पूर्णतायेन पळोवपा खातीर तुमकां भुंयेची एक खूब बारीक पट्टी जी उत्तर अमेरिके सावन वता (जिका "सम्पूर्णतायेचो पथाचेर" म्हणटात) तिचे भीतर आसूंक जाय. तुमी हे वाटेर नासत जाल्यार तुमकां फकत मातशें वा अर्दें गिराण दिसतलें. तुमी सम्पूर्णतायेच्या पथाचेर आसात काय ना हें कळप खूब गरजेचें, आनी वापरा खातीर योग्य पद्दत रोखडींच सांगतलीं.



*सम्पूर्णतायेच्या पथाचेर*

## वेगाचें सुरवाती गायड

## विस्तारीत निर्देश

"गिराण पळोवपाचें ओक्ल" हें उतर ह्या दुकुमेंतांत "Eclipse Glasses" हाचे प्रतिनिधित्व करपा खातीर वापरला, जाचो उल्लेख इंग्लीश अस्वीकरणांत आनी दुकुमेतांत वा बाकी कडेन केल्लो आसा.

सुर्याक पळोवपा खातीर गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करप हें गरजेचें आसा. खंयचेय वेळार गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरपा खातीर तुमकां सारकें आनी पुरायपणान सगल्या निर्देशां भितर आशिल्ले निर्देश आनी दिशा पाळपाक जाय. तुमकां जर ते निर्देश समजनात, वा तुमी पुराय तरेन आनी सारके तरेन पाळपाक शकनात, वा तुमी तांची अटी मानिनात, जाल्यार खंयचेय पद्दतीन, तुमी वेळार सुर्याक पळोवपाचो येत्न करचो न्हय.

# *गिराण पळोवपाचें ओक्ल वेगाचो सुरवाती गायड*

*हो गायड [कोंकणीन विस्तारीत निर्देशांक थोडेभितर सांगता](), गिराण पळोवपाक गिराण पळोवपाचें ओक्ल उपेग करपा खातीर हें वाचून, समजून आनी पुराय तरेन मानपाक जाय.*

1) **[Eclipse2024.org/find-times]() चेर आपलो प्रस्तावीत सुवातेर पळयात आनी खबर काडात की हो गिराण खग्रास सूर्यगिराण आसतलें कांय ना, आनी त्या सुवातेर आंशीक वा वट्ट कळा (आसत जाल्यार) संपर्क वेळ अदमासान खंयचो आसतलो.**

2) **खग्रास सूर्यगिराण ही एक सामकी दोळे दिपकावपी घडणूक, पूण सम्पूर्णतायेचो अणभव तुमी तेन्नाच घेवपाक शकतात जेन्ना तुमी “सम्पूर्णतायेचे पथाचेर” वा रास्त्या भितर आसत जाल्यार जें फकत दोनशे किलोमीटर रूंद आसा. सम्पूर्णताय तुमच्या थारायिल्ल्या सुवातेर सावन दिसना जाल्यार सम्पूर्णतायेच्या पथाचेर खंय रावन सुर्यागिराण पळोवपाचो विचार करचो असो आमचो सल्लो.**

3) **गिराण पळोवपा खातीर गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करपा, गिराण पळोवपाचें ओक्ल लॅन्स तुमच्या दोळ्यां मुखार सारकें दवरात जेणेकरून सुर्याक पळयतना तुमच्या दोळ्यांक कसलीच इजा जावची ना.**

4) **सुर्याक पळयतना गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर केन्ना करपः**
   **अ. गिराण तुमच्या सुवातेर सावन पूर्ण दिसना जाल्यार, पुराय वेळ तुमी गिराण पळोवपाचें ओक्ल माध्यमांतल्यानूच पळयात. दोळ्यांच्या सुरक्षेचे योग्य तरां शिवाय, सुर्याक सरळ पळयिल्ल्यान दोळ्यांक कायमी लुकसाण जावं येता.**

   **आ. गिराण तुमच्या वाठारांत सम्पूर्णतायेन आसत जाल्यार, तुमी गिराण पळोवपाचें ओक्ल माध्यमांतल्यानूच खंयचोय भाग पळोवं येता-थोडो लेगीत. तुमी हे निर्देश मानिनात जाल्यार तुमच्या दोळ्यांक कायमचें लुकसाण जावं येता.**

   - **i. जरी, सम्पूर्णतायेच्या थोड्या अवकाशा वेळारूच जेन्ना सुर्याचो उज्वल चक्राचो खंयचो भाग मातूय दिसना, तेन्ना खग्रास सूर्यगिराण गिराण पळोवपाचें ओक्ल शिवाय पळोवंक शकतात.**
   - **ii. खरें म्हणल्यार, जर तुमी सम्पूर्णतायेचे वेळार गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करून सुर्याक पळोवपाचो यत्न करीत जाल्यार सुद्दा कांयच दिश्टी पडचें ना.**
   - **iii. सम्पुर्णताय काबार जाताच, जेन्ना सुर्याचो उज्वल चक्र परत दिश्टी पडटाच, तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरचें पडटले.**

5) **दुसऱ्या शब्दांनी,**

**जेन्ना सुर्याच्या उज्वल चक्राचो खंयचोय भाग दिसता, तेन्ना सुर्याक पळोवपाक तुमी गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करचो.**

© 2014-2024
[Eclipse2024.org]()

# *गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरपाचे विस्तारीत निर्देश*

सगळ्यांत पयलीं कांय उतरावळ समजून घेवप गरजेचें!

दर एका गिराणा वेळार धरतरेच्या प्रत्येक जाग्याक, कांय महत्वाच्या घडणुकांच्या वेळाक परिभाशीत केला. ते सकयल दिल्ले प्रमाणें आसाः

| *घटणेचें नांव* | *घटणेचें विवरण* | *तें कशें दिसता* (खग्रासा खातीर) | *तें कशें दिसता* (आंशीक गिराणाखातीर) |
|---|---|---|---|
| ***C1*** | **आंशीक चरणाची सुरवात** |  |  |
| ***C2*** | **सम्पूर्णतायेचे सुरवात** |  | ** घडना! ** |
| ***मध्य-गिराण*** | **गिराणाची मध्य स्थिती** |  |  |
| ***C3*** | **सम्पूर्णतायेचो अखेर** |  | ** घडना! ** |
| ***C4*** | **आंशीक चरणाचो अखेर** |  |  |

# *1) गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरपा खातीर सामान्य निर्देश*



1) गिराण पळोवपाचें ओक्ल पॅकिंग सांबाळून उक्तें करचें (*लागू जायत जाल्यार*).
2) वापरनात जाल्यार, गिराण पळोवपाचें ओक्ल सुरक्षीत दवरचें.
3) दर फावटीं वापरचे पयलीं निरीक्षण करचें, जर लॅन्साचो पड्डो पाड जाला वा आंवुळ्ळा, जाल्यार तो गिराण पळोवपाचें ओक्ल कातरून उडोवचो, आनी एक नवीन गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरचो.
4) लॅन्साचो पड्डो पाड जालो जाल्यार, सुर्याक पळोवपाक गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करचो न्हय.
5) गिराण पळोवपाचें ओक्ल लॅन्साच्या पड्ड्याचो सामानाक काडचें न्हय, आनी काडिल्ल्या लॅन्सा पड्ड्याच्या सामानान सुर्याक पळोवचें न्हय.
6) गिराण पळोवपाचें ओक्ल बरे तरेन बसयिल्ले इबाडूंक नाशिल्ले लॅन्स सुरक्षीत रुपान दृश्य प्रकाशाच्या वायट स्तरांक, आनी लुकसाणदिणें निलांतीत आनी हेर सौर किरणां पासून आडावन दवरता. देखून ह्या निर्देशां वरवीं दिल्ल्या दिशां प्रमाणे, खंयचेय वेळार सुर्याक पळोवपा खातीर, गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरप पुराय तरेन सुरक्षीत आसा. अशीं कांय खास "गिराणा किरणां" आसनात जी एका गिराणा वेळार सुर्याक पळोवपाक सादारणा परस चड वा उणें घातकी आसतात.
7) **केन्नाय तुमकां सुर्याचो उज्वल चक्राचो खंयचोय भाग दिसत जाल्यार तुमी गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करचो, सुर्याक सुरक्षीतपणान पळोवपा खातीर, हांगा सांगिल्ले पद्धती प्रमाणें करचें. हें सदांच खरें तुमी खंयचेय स्त्रोता सावन आसत, खंयचेय गिराणाचो संपर्क वेळ (म्हणल्यार "C2" आनी "C3" हांच्या रुपान वयर वर्णन केला) नोंदिल्ले आसा.**
8) गिराण पळोवपाचें ओक्ल उपेग खंयचेय दुरबीन, कॅमेरा, लॅन्स, हारसो, बी वा खंयच्याय हेर प्रकाशी उपकरण वा यंत्रणा, जे उजवाडाक प्रेशीत वा प्रतिबिंबीत ("प्रकाशी यंत्रणा") करूंक शकता, असल्यो वस्तू एकठांय करच्यो न्हय.
9) ही प्रकाशी यंत्रणा केन्नाच सुर्या वटेन घुंवडावची न्हय, आनी केन्नाच सरळ सुर्याची सावळी पळोवपा खातीर खंयचेय असल्या प्रकाशी यंत्रणाचो वापर करचो न्हय जो सुर्या वटेन घुंविल्लें आसा, वा खंयचेय तरेन सुर्याच्या उजवाडाक एकठांय करपाक, केंद्रित करपाक वा परत निर्देशीत करपाक जाय.
10) जनावरांक, तत्पुरतें वा पुराय तरेन अपंगुळ लोकांक, वा त्या लोकांक जे गिराण पळोवपाचें ओक्ल सुरक्षीत वापर करपाच्या हेतूक वाचपाक, समजुपाक वा पाळपाक या कायद्यान आपल्या कामांच्या परिणामांची जबाबदारी स्विकार करपाक समर्थ ना तांकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरपाची मान्यताय दिवची न्हय.
11) गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरपा खातीरः



गिराण पळोवपाचें ओक्ल पुराय तरेन तुमचे दोळे आनी सूर्य हाचे मदीं धरचें मागीर गिराण पळोवपाचें ओक्ल इबाडूंक नाशिल्ल्या लॅन्सा वरवीं सुर्याक पळयात, लॅन्स तशेंच दवरून. पापेलांवा पसून तयार केल्ल्या ओक्लाच्या आकारा भशेन गिराण पळोवपाचें ओक्ल करात, अशे तरेन पापेलांव मोडूं येता जसो ओक्ला भशेन गिराण पळोवपाचें ओक्ल घालूं येता. गिराण पळोवपाचें ओक्ल इबाडूंक नाशिल्ल्या लॅन्साच्या माध्यमा शिवाय, केन्नाच सुर्याक सरळ पळोवचें न्हय जेन्ना तें सम्पूर्णतायेचें आसना (जें सकयल दिल्ल्या चार्टा प्रमाणें C2 आनी C3 हांच्या मदल्या वेळार आसतलें- पूण तुमच्या पळोवपाच्या वाठाराचेर लागू आसलेलें).
12) सुर्याक पळयतना दोळ्यांची राखण करपा खातीर गिराण पळोवपाचें ओक्ल धारकां भितर लायिल्ल्या लॅन्सा बगर खंयचेंय हेर सामान वा वस्तू हांचो उपेग करचो न्हय.
13) तुमकां कसलोय प्रस्न आसत जाल्यार उपकार करून Eclipse2024.org हातूंत https://tinyurl.com/glasses-questions हाचेर संपर्क करचें.

## *2) तुमच्या वाठारा खातीर गिराण घडपाचो खाशेलो वेळ शिकुया*

तुमच्या वाठारा खातीर eclipse2024.org/find-times हाचेर आशिल्ले माहितीच्या आदाराचेर सकयल दिल्लीं विधानां भरात:

*म्हज्या वाठारा खातीर, गिराण हे तरेन आसा:*

| पूर्ण | पूर्ण ना |
|---|---|

*(पयलो भोंवडो)*

| तुमच्या वाठारांत गिराण पूर्ण आसत, जाल्यार सकयल दिल्ल्या अनुभागाचें पालन करचे<br><br>**“म्हज्या वाठारांत गिराण *पूर्ण* आसत”**<br><br>अनुभाग सकयल दिला: | तुमच्या वाठारांत गिराण पूर्ण नासत, जाल्यार सकयल दिल्ल्या अनुभागाचें पालन करचे<br><br>**“म्हज्या वाठारांत गिराण *पूर्ण नासत*”**<br><br>अनुभाग सकयल दिला: |
|---|---|

## ** म्हज्या वाठारांत गिराण पूर्ण आसा **

तुमी सम्पूर्णतायेचे पथाचेर आसात, आनी तुमी एक दुर्मीळ आनी अजापाची गजाल अणभवतलीं. तुमच्या वाठारांत गिराण केन्ना पूर्ण आसतलें हें थारावपाक तुमी सक्षम आसतलीं हें खूब गरजेचें. सकयल दिल्लो वेळ पळोवन तुमी हें करपाक सक्षम आसतली, आनी देखून थंय सम्पूर्णताये वेळार सुर्याचे उज्ज्वल चक्र दिश्टी पडचें ना.

1) तुमच्या खाशेल्या सुवाते खातीर eclipse2024.org/find-times हाचेर आशिल्ल्या माहितीच्या आदाराचेर, सकयल दिल्ल्या दर गिराणाचे घटनेचो अदमासाचो वेळ बरोवन दवरचो (तुमच्या समयक्षेत्रा प्रमाणें वेळ जुळोवन घेवचो!):

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| *C1 पयलीं* | * गिराण ना * | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *C1* | **आंशीक चरणाचे सुरवातीचो वेळ:** | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *C2* | **सम्पूर्णतायेचे सुरवातीचो वेळ:** | |  |  | **C2 उपरांत**, तुमी उक्त्या दोळ्यांनी निरीक्षण करूं येता |
| *मध्य – गिराण* | **गिराणाचे मध्य स्थितीचो वेळ:** | |  |  | **तुमी उक्त्या दोळ्यांनी निरीक्षण करूं येता!** |
| *C3* | **सम्पूर्णतायेचो अखेरचो वेळ:** | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर परत **मुजरत** करूंक जाय |
| *C4* | **आंशीक चरणाचो अखेरचो वेळ:** | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *उपरांत C4* | * गिराण ना * | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |

2) जरी तुमी सम्पूर्णतायेचे वाटे भितर आसात, तरी सुद्दा तुमकां C2 सुरू जावचे पयलीं वा C3 उपरांत सेगीत जेन्ना गिराण पूर्ण नासतलें, सुर्याक पळोवपा खातीर गिराण पळोवपाचें ओक्ल उपेग करचोच पडटलो.

3) तुमी उक्त्या दोळ्यांनी सरळ (गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापरिनासतना) सुर्याचें निरीक्षण तेन्नाच करूंक शकतात जेन्नाः

   क. जर गिराण तुमचे वाठारा सावन पूर्ण आसत (तुमी “सम्पूर्णतायेच्या वाठेर आसात”), आनी
   ख. सम्पूर्णताये वेळार (सुमार C2 ते C3 मदीं, जाचो वयर उल्लेख केला), आनी
   **ग. जेन्ना सुर्याच्या उज्वल चक्राक चंद्रान पुराय तरेन लिपोवन दवरूंक ना तेन्ना.**

खग्रासाचो खरो वेळ तुमच्या सटीक वाठाराचेर अवलंबून आसता आनी दर वाठारा खातीर वेगळो-वेगळो वेळ आसतलो, देखून तुमकां पयलींच अदमाचो वेळ बरोवन दवरूंक जाय. वयर दिल्लो वेळ अदमासाचो आसा!

4) परत एकदां, वयर दिल्ल्या वा खंयचेय भायल्या सुत्रां कडून मेळयिल्ल्या माहितींत वेळ खंयचोय आसूं, **जेन्नाय सुर्याच्या उज्वल चक्राचो खंयचो भाग दिश्टी पडटा, जाल्यार सुर्याक पळोवपाक सद्दां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करचो.**

5) ह्या निर्देशांक समजुपा खातीर आकृताययुक्त विवरण दिल्लें आसा.

---

*तुमी सकयल दिल्ली घोशणा वाचून, समजून आनी स्विकारून घेवपाक जाय:*

## गिराण पळोवपाचें ओक्ल सुरक्षीत वापरपा खातीर म्हाका सगळे निर्देश पाळपाक जाय.

# जर सुर्याच्या उज्वल चक्राचो खंयचोय भाग दिसत जाल्यार, म्हाका सुर्याक पळयतना गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर मुजरत करूंक जाय.

*© 2014-2024*
*Eclipse2024.org*

## ** म्हज्या वाठारांत गिराण पूर्ण नासत **

तुमी सम्पूर्णतायेचे पथाचेर नात, म्हणून तुमी खग्रास सूर्यगिराणाचे सोबीतकायेचो अणभव घेवंक शकचेनात (आमी तुमकां सम्पूर्णतायेचे पथार बदलपाचो सल्लो दितली जेणेकरून तुमी ह्या अपरूप अणभवाचो लाव घेवंक शकतलीं!)

1) तुमच्या खाशेल्या सुवाते खातीर eclipse2024.org/find-times हाचेर आशिल्ल्या माहितीच्या आदाराचेर, सकयल दिल्ल्या दर गिराणाचे घटनेचो अदमासाचो वेळ बरोवन दवरचो (तुमच्या समयक्षेत्रा प्रमाणें वेळ जुळोवन घेवचो!):

| | | | | | |
|---|---|---|---|---|---|
| *C1 पयलीं* | * गिराण ना * | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *C1* | **आंशीक चरणाचे सुरवाती वेळार:** | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *मध्य – गिराण* | **गिराणाचे मध्य स्थिती वेळार:** | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *C4* | **आंशीक चरणाच्या अखेरा वेळार:** | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |
| *C4 उपरांत* | * गिराण ना * | |  |  | तुमकां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर **मुजरत** करूंक जाय |

*(हांगा खंयचोय C2 आनी C3 वेळ वळेरींत ना कित्याकतर तुमचो वाठार खग्रासांत येना हें लक्षांत दवरात!)*

2) **तुमी जंय आसात थंय पूर्ण गिराण ना म्हणून सुर्याक पळोवपा खातीर सद्दां गिराण पळोवपाचें ओक्ल वापर करचो**. तुमी सम्पूर्णतायेच्या वाटेर भितर सरचें हेंवूय आमी तुमचे कडेन परत मागतात. गिराण पळोवपाचें ओक्ल आपले वांगडा व्हरपाक विसरचें न्हय, जेणेकरून तुमी गिराणाच्या आंशीक चरणांक सुरक्षीत तरेन पळोवपाक शकतले.

3) ह्या निर्देशांक समजुपा खातीर आकृताययुक्त विवरण दिल्लें आसा.

---

***तुमी सकयल दिल्ली घोशणा वाचून, समजून आनी स्विकारून घेवपाक जाय:***

**गिराण पळोवपाचें ओक्ल सुरक्षीत वापरपा खातीर म्हाका सगळे निर्देश पाळपाक जाय.**

# म्हाका सुर्याक पळयतना गिराण पळोवपाचें ओक्ल सद्दां मुजरत वापर करूंक जाय.

कोंकणी

GRAN ECLIPSE NORTEAMERICANO

GRANDE ÉCLIPSE NORD-AMÉRICAINE

GREAT NORTH AMERICAN ECLIPSE

ECLIPSE 2024 .org